**कोवीड परिस्थितीचेर व्हर्च्युअल बसका जाली**

ता. 19 एप्रिल 2021

लोकसभेचे सभापती श्री. ओम बिर्ला हांणी आयज "सध्याची कोवीड-19 परिस्थिती आनी लोकप्रतिनीधींची भुमीका आनी जबाबदारी" ह्या विशयाचेर राज्य विधीमंडळ अध्यक्षीय अधिकारी आनी हेर फुडाऱ्यांबरोबर व्हर्च्युअल बसका घेतली. गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. राजेश पाटणेकर हेवूय बसकेत सहभागी जाल्ले. तांणी अध्यक्षीय अधिकाऱ्यांक गोंयांतली सध्याची कोवीड परिस्थिती आनी सरकारान कोवीड संसर्गाचेर नियंत्रण दवरपाखातीर लागू केल्ले एसओपी आनी दुयेंतींच्या उपचारांखातीर सूरू केल्ल्या उपायांची तशेंच राज्यांतली हॉस्पितळां आनी भलायकी केंद्रांनी उपलब्ध आशिल्ल्या ऑक्सिजन बॅडस्, ऑक्सिजनची उपलब्धता, रेमडेसिवीर वासिनां आनी हेर सुविधांच्या उपलब्धतेविशीं म्हायती दिली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/416

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji